आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा

Panaji National

8 July 2026 6:30 Pm

Pm UNESCO 97

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज इंडोनेशियाचे राष्ट्राअध्यक्ष प्रबोवो सुबियांतो हांचे वांगडा युनेस्कोच्या संवसारीक दायजाच्या योग्याकार्टाच्या प्रंबनन देवळाक भेट दिली.

भारत आनी इंडोनेशिया हांचे मदल्या शेंकड्यांनी वर्सां पोरन्या संस्कृतायेच्या बंधनाचें प्रतीक म्हणून प्रंबनन उबे आसा अशें राष्ट्राध्यक्ष प्रबोवो हांणी निवेदनांत म्हणलां. देवळ संकुलाचे संवर्धन आनी जीर्णोध्दार करपा खातीर भारतान दिल्ल्या आदाराचे तांणी उपकार मानले प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सुमार बारा शेंकड्यांच्या काळांत हें भव्य दायज सांबाळपा खातीर इंडोनेशियाच्या लोकांचे उपकार मानताना ताणी म्हणला...

पुनर्स्थापना प्रकल्पाक लागून लोकां मदले संबंद आनीक घटमूट जातले असो विस्वास प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी उक्तायला.

Cp 45

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन फाल्यां ओडिशाच्या भुवनेश्वराक भेट दितले. ह्या भेटी वेळार, ओडिशा कृषी आनी तंत्रज्ञान विद्यापीठ, भुवनेश्वर हांगा व्हड दर्यांत नुस्तेमारीचो टिकावू फायदो घेवपा खातीर अधिकृतताय पत्रां जारी करपाच्या राष्ट्रीय लॉंच कार्यावळीक उपराष्ट्रपती हाजीर रावतले. राधाकृष्णन ओडिशा डीप सी फिशिंग मिशन दस्तावेज लेगीत सुरु करतले.

SHAH-MAHARASHTRA SITUATION 65

घरमंत्री अमित शाहा हाणी आयज म्हाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांच्याकडेन उलोवन म्हाराष्ट्रात उटंगाराच्या पावसाक लागून जाल्या परिस्थितीचो नियाळ घेतलो. फाटल्या कांय दिसांत उटंगाराच्या पावसाक लागून म्हाराष्ट्रातल्या कांय वाठारानी लुकसाण जाला आनी लोक जीण विस्कळीत जाल्या. ह्या परिस्थितीक तोंड दिवपाक म्हाराष्ट्र सरकाराक जाय ती मदत केंद्र सरकार करतले अशे केंद्रीय घरमंत्री अमित शाहा हाणी म्हणला.

Shivaraj 81

केंद्रीय कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी आयज अल निनोच्या संभाव्य परिणामाचेर उचेल्या पावंडा वेली नियाळ बस्का घेतली. केंद्र सरकारान ह्या वर्सा एप्रीलांत अल निनोचें आव्हान सोंपोवपाची तयारी सुरू केल्ली. अल निनो मॉनिटरिंग सेल, क्रॉप वेदर वॉच ग्रुप, राज्य नियंत्रण कक्ष आनी नोडल अधिकाऱ्यां वरवीं पेरणी, पीक आनी बाजार परिस्थितीचेर नेमान नदर दवरतात अशें बसके उपरांत नवी दिल्लींत पत्रकारांकडेन उलयतना शिवराज सिंह चौहान हाणी सांगलें. ताणी शेतकारांक मकें, बाजरी, मूग ह्या सारक्या अल्पकाळाच्या पिकांक प्राधान्य दिवपाचो सल्लो दिला.

Saras 51

नागरी विमान वाहतूक मंत्री राम मोहन नायडू हाणी 19 आसनांचो सारस एम. के.-II हाचो आराखडो टप्पो येसस्वीपणान पुराय केल्या खातीर नॅशनल एरोस्पेस लॅबोरेटरीजाची तोखणाय केल्या. सारस हे देशांतले पयले स्वदेशी बनावटीचें येरादारी विमान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदींच्या आत्मनिर्भर भारताच्या दृश्टीक मुखार व्हरता अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राम मोहन नायडू हाणी म्हणला.

Joshi pralhad 62

केंद्रीय नवी आनी नविकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशी हाणी आयज भारतीय मानक ब्युरो वांगडा, येवपी राष्ट्रीय प्रमाणीकरण संस्थांच्या ब्रिक्स मुखेल्याच्या बसकेच्या तयारीचें मुल्यांकन करपा खातीर समीक्षा बसकेचें फुडारपण केलें. कर्नाटकांतल्या बेंगळूरांत जावपी आंतरराश्ट्रीय बसकेचें येसस्वी संचालन करपा खातीर आनी प्रमाणीकरण क्षेत्रांत ब्रिकस देशांमदलो सहकार आनीक घटमूट करपा खातीर पुराय समन्वय, कार्यक्षम अंमलबजावणी आनी बारीकसाणेन नियोजन करपाचेर ह्या बसकेंत ताणी भर दिलो.

खेळ 48

काल रातीं नॉटिंगहामाच्या ट्रेंट ब्रिजांत जाल्ल्या, दादल्यांच्या टी-20 आंतरराश्ट्रीय क्रिकेटाच्या तिसऱ्या सर्तींत, इंग्लंडान भारताक 125 धांवड्यांनी हारयलो.

फुटबॉल सर्तींत वॅनकुवरांत पेनल्टी शूटआऊटांत स्वित्झर्लंडान कोलंबियाचेर  4 आड 3 अशी मात करून फिफा विश्वचषकाच्या क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केला. तशेच अटलांटन जाल्ल्या सर्तींत अर्जेंटिनान इजिप्ताक  हारावन सर्तीच्या क्वार्टर फायनलींत प्रवेश केला.

हवामान 47

भारतीय हवामान खात्यान आयज देशाच्या मध्य आनी उदेंत वाठारांनी व्हड पावस पडपासंयत वादळ येवपाची शक्यताय उक्तावन ऑरेंज अलेर्त जारी केला. फुडल्या 2-3 दिसांनी उत्तर अरबी दर्या, राजस्थान, हरियाणा आनी पंजाब हांच्या उरिल्ल्या वाठारां सयत पुराय देशांत नैऋत्य मोसमी पावस फुडें सरतलो असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आमचे फुडले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले – फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंटाचेर.